# गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याची तयारी नेटान

ता. 12 डिसेंबर 2025

राज्यांत गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याची तयारी नेटान चालू आसून राज्य पांवड्यावयलो गोंय मुक्ती दीस सुवाळो ता. 19 डिसेंबर 2025 दिसा सकाळी 9.15 वरांचेर ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर हॅलीपॅड वाठारात जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी मानवंदना दितले. उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले.

राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याक मंत्रीमंडळातले वांगडी, आमदार, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, एडव्होकेट जनरल, सरकारी सचीव, अधिकारी हजर रावतले.

राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात शाळांची भुरगीं सांस्कृतिक कार्यक्रम सादर करतली.

तशेंच मडगांवा जिल्हा पांवड्याचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळ्यात भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दिगंबर कामत राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळ्यात वीजमंत्री श्री. सुदिन ढवळीकर राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

त्याच वांगडा तालुका पांवड्यावयल्या मुक्ती दीस सुवाळ्यात म्हापशें हांगा पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, वास्को हांगा येरादारीमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, काणकोणा कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. रमेश तवडकर, पेडणे हांगा नुस्तेमारीमंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर, सांगे समाज कल्याणमंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, केपे हांगा उदकास्त्रोतमंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर, दिवचले आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट तिरंगो बावटो हुबयतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/949

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.